२४-०४-२०२६

सकाळी: ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

- अस्तंत बंगालांत विधासभा वेंचणुकेच्या पयल्या पावंड्यात 92.72% विक्रमी मतदानाची नोंद, जाल्यार तमीळनाडूत 85.14% मतदान.
- अस्तंत बंगाल विधानसभा वेचणूकेखातीर वेचणूक आयोगान मतदाना उपरांतची नवी मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्या.
- बिहार विधानसभेचें एक दिसाचें खाशेलें अधिवेशन आयज जातलें.
- भारतीय नागरिकांनी हवाई वा जमिनीवेल्या मार्गान इराणात प्रवास करचो न्हंय; तेहरानातल्या भारतीय दूतावासान दिलो खर सल्लो.
- आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात , चेन्नई सुपर किंग्स पंगडान मुंबय इंडियन्स पंगडाक १०३ धावंड्यांनी हारयले.

अस्तंत बंगाल विधासभा वेचणूक -

अस्तंत बंगालांत विधासभा वेंचणुकेच्या पयल्या पावंड्यात 92.72% विक्रमी मतदानाची नोंद जाली, जाल्यार तमीळनाडूत 85.14% इतलें मतदानाची नोंद जाली. पयल्या पावंड्यात अस्तंत बंगालांतल्या 152 मतदारसंघांनी मतदान जालें, जाल्यार तमीळ नाडूच्या 234 वांगड्यांच्या विधानसभेखातीर एकाच पावडयात मतदान जालें.

अस्तंत बंगालच्या वेंचणुकेच्या पयल्या पावड्यात जाल्लें मतदान हें स्वातंत्र्या उपरांतचें "सगळ्यांत चड टक्केवारीचें" मतदान आसा अशें मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी सांगलें.

बंगालच्या ह्या व्हड मतदानाक "बदलाखातीर कौल" अशें  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. 4 मेक जेन्ना मत मेजणी जातली, तेन्ना अस्तंत बंगालांतल्या "तृणमूल काँग्रेसच्या 15 वर्सांच्या सिंडिकेट वेवस्थेचो आनी महा जंगल राज्याचो" अंत जातलो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.

अस्तंत बंगालांतल्या 294 जाग्यांतल्या उरिल्ल्या 142 सूवातांखातीर  मतदान 29 एप्रीलाक जातलें. केरळ, आसाम, अस्तंत बंगाल, तमीळनाडू आनी पुद्दुचेरी अशा चार राज्यां आनी एका केंद्रशासित प्रदेशाची मतमेजणी 4 मेक जातली.

मोदी बंगाल 102 वेचणूक

अस्तंत बंगालांत दुसऱ्या टप्प्याचे विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार सुरू आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कृष्णनगरांत रॅलीक संबोधीत करून राज्यांत राजकी बदल अपरिहार्य आसा अशें सांगला. अस्तंत बंगालांतलें टीएमसी सरकार बेकायदेशीर घुसखोरीक प्रोत्साहन दिता असो आरोप प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केला. संसदेंत आरक्षण विधेयक आडायल्ल्यान तृणमूल काँग्रेसीचेरूय ताणी टिका केली. सबका साथ, सबका विकासाची दृश्टी घेवन आपलें सरकार मुखार वता. हे वेळार उलयताना तांणी म्हळे ... byte

मार्गदर्शक तत्वां वेचणूक आयोग -

अस्तंत बंगाल विधानसभा वेचणूकेखातीर वेचणूक आयोगान मतदाना उपरांतची नवी  मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्या. मतदान सोपल्या उपरांत नदर दवरपी कॅमेऱ्यांची आनी व्हिडिओ डेटाची हाताळणी करपाखातीर वेचणूक आयोगान कडक नेम घालून दिल्यात. नव्या मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण, मतदान केंद्रावेल्या कॅमेऱ्यांमदी वापरील्ले एसडी कार्ड मतदान सोपल्या उपरांत रोकडेच काडपाक मेळचे ना. ते फकत सहाय्यक वेचणूक अधिकाऱ्यांच्या हजेरेत, निर्धारित डेटा संकलन आनी स्वीकार केंद्रांचेरुच काडपाक मेळतले. मतदानावेळार चित्रित केल्ले सगळे व्हिडिओ फुटेज सुरक्षितपणान आनी पद्धतशीरपणान जतन करप गरजेचे. जोमेरेन कॅमेऱ्याची उपकरणा पूराय पणान काडीनात, तोपर्यंत

मतदान पथकाचो खंयचोय वांगडी वा बूथ लेव्हल ऑफिसर (बीएलओ) मतदान केंद्र सोडून वचूंक शकचे नात.

एस जयशंकर / आफ्रिका

हे गुंतागुंतीच्या भू राजकीय आव्हानाक फुडो करीत आसतांना भारत आफ्रिका या दोन्ही देशांच्या भागीदारिक महत्त्व आयला अशे विदेश व्यवहार मंत्री एस. जयशंकर हाणी म्हणला. आयज भारताच्या परराष्ट्र धोरणात आफ्रिकेक मध्यवर्ती सुवात आसा आणि भारतान हालीसराक आफ्रीकेत्लो आपलो राजनैतीक प्रभाव वाडीक लायला अशे विदेश व्यवहार मंत्री एस. जयशंकर हाणी मुखार म्हणला.

Bihar –

बिहार विधानसभेचें एक दिसाचें खाशेलें अधिवेशन आयज जातलें. विधानसभेच्यो प्रभारी सचीव पूनम सिन्हा हांणी हाचो अजेंडा जारी केला. सकाळीं ११ वरांचेर सभापती डॉ. प्रेम कुमार हांच्या भाशणान कामकाजाक सुरवात जातली.

राज्यांत नव्या सरकाराच्या स्थापने उपरांत हें अधिवेशन खूब म्हत्वाचें मानतात. मुखेलमंत्री सम्राट चौधरी सभाघरात विश्वासदर्शक थाराव मांडतले. राज्याच्या २४३ वांगड्यांच्या विधानसभेंत एनडीए (NDA) कडे २०१ सीटा आसात, जाल्यार विरोधी पक्षा कडे ४१ सीटा आसात. राज्यसभेचेर वेंचून आयिल्ल्यान भाजप फुडारी नितीन नबीन हांणी राजीनामो दिलो, ताका लागून एक सीट रिते आसा.

तेहरान भारतीय दूतावास -

तेहरानातल्या भारतीय दूतावासान भारतीय नागरिकांक हवाई वा जमिनीवेल्या मार्गान इराणात प्रवास करचो न्हंय असो खर सल्लो दिला. प्रादेशिक तणावाक लागून हवाई क्षेत्रावेले निर्बंध आनी कामकाजातली अनिश्चितताय हांचो इराणात यो-वच करपी आंतरराष्ट्रीय विमानसेवेचेर परिणाम जाला अशें एका सूचोवणेत, दूतावासाने म्हळा. सध्या इराणात आशिल्ल्या सगळ्या भारतीय नागरिकांनी दूतावासाकडेन संपर्क जोडून, निश्चित केल्ल्यो जमिनीवेल्या शीम मार्गांवरवीच देश सोडचो अशेंय दूतावासान फुडे म्हळा.

सुजाता

अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाच्या फाटभुयेर नागरिकांक कसलीच असुविधा जावची न्हय हे खातीर सरकारान जतनाय घेता. देशभरांत एलपीजीची पुरवण पुरायपणान चालू आसा  अशे  नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलयतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें. हेवेळार उलयताना तांणी म्हळे ....

NATIONAL PANCHAYATI RAJ DAY -

पंचायती राज मंत्रालय आयज नवी दिल्लींत राष्ट्रीय पंचायती राज दीस मनयतलो. ह्या राष्ट्रीय कार्यावळीचो एक म्हत्वाचो वांटो म्हूण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो संदेश ह्या सुवाळ्यांत वाचतले, अशी माहिती मंत्रालयान दिल्या. प्रधानमंत्र्याचो हो संदेश देशभरातल्या पंचायती राज संस्थांच्या आनी ग्रामीण थळाव्या स्वराज्य संस्थांच्या वेंचून आयिल्ल्या प्रतिनिधीं मेरेन आनी पदाधिकाऱ्यां मेरेन पावयतले, अशें मंत्रालयान मुखार सांगलें.

ह्या राष्ट्रीय कार्यावळीत पंचायती राज राज्यमंत्री प्रो. एस.पी. सिंह बघेल, मंत्रालयाचे सचीव आनी हेर वरिश्ठ अधिकारी हजर रावतले. ह्या निमतान 'पंचायत उन्नति सूचकांक' हाचेर एक अहवाल आनी 'मेरी पंचायत मेरी धरोहर' हाचेर तीन पुस्तकां उजवाडाक येतलीं, अशी माहिती मंत्रालयान दिल्या.

'मन की बात' -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी येता त्या आयतारा सकाळी ११ वरांचेर आकाशवाणीच्या  'मन की बात' कार्यावळीतल्यान देश विदेशातल्या लोकांकडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हंयन्याळी कार्यावळीचो १३३वो वाटो आसतलो. ही कार्यावळ सगळ्या आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्काचेर प्रसारित जातली. तशेच, ताचे थेट प्रक्षेपण एआयआर न्यूज, डीडी न्यूज,  प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या यूट्यूब चॅनेलाचेर  लेगीत जातले. आकाशवाणी हाचे प्रसारण प्रादेशिक भाषांनीय करतले.

IMD –

हवामान खात्यान आज दिल्ली, बिहार, छत्तीसगड, हरियाणा, चंदीगड, मध्य प्रदेश, पंजाब, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भाच्या कांय वाठारांनी उश्णतेची लाट येवपाची शक्यताय उक्तायल्या. दुसरीकडे, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय आनी उप-हिमालयीन अस्तंत बंगाल तशेंच सिक्किमांत खूब पावस पडपाची शक्यताय आसा.

क्रिकेट - १

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल राती मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात , चेन्नई सुपर किंग्स पंगडान मुंबय इंडियन्स पंगडाक १०३ धावंड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना चेन्नई सुपर किंग्स पंगडान निर्धारित २० षटकांत ६ बाद २०७ धावंड्यांचो दोंगोर उबारील्लो.

आयज, बंगळूरुतल्या एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमात सांजे ७:३०क रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूरु आनी गुजरात टायटन्स पंगडामदी खेळ जातलो.

एक कळोवणी

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करूंक शकतात.

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयला.उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026.